# राष्ट्रीय उच्च शिक्षण अभियानाच्या कार्यशाळेचो समारोप

ता. 29 नाव्हेंबर 2017
8 मार्गशीष 1939

उच्च शिक्षण संचालनालयान महाविद्यालयांच्या प्राचार्यांखातीर आयोजीत केल्ल्या डिजिटल संवसारात शालेय फुडारपण ह्या तीन दिसाच्या कार्यशाळेचो समारोप आयज मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे उपस्थितीत जालो. राष्ट्रीय उच्च शिक्षण अभियानाचो भाग आशिल्ली ही कार्यशाळा कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो-पणजी हांगा आयोजीत केल्ली.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्रयान सांगले, की नवीन तंत्रज्ञानाची माहिती नाशिल्ले खातीर प्राचार्यांनी भंय बाळगूचो न्हय तशेंच चिंता करची न्हय. तांणी नवीन तंत्रज्ञान शिकून घेवपाखातीर विद्यार्थ्यांची मदत घेवची. आयज तंत्रगिन्यानात नवीन नवीन भर पडत आसा. माहिती तंत्रज्ञान साधनांची वाड जाल्ली आसा, पूण हे तंत्रज्ञान आमी शिकून घेवपाची गरज आसा, ते खातीर शालेय तंत्रज्ञानाचेर नियंत्रण आशिल्ल्यांनी डिजिटल युगांचे नेतृत्व करपाची गरज आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

राज्यात यशस्वी थारिल्ल्या सायबर एज येवजणेचो उल्लेख करून शिक्षकांनी तंत्रज्ञानाच्या मळार हुशार जावपी विद्यार्थ्यांच्या प्रस्नांच्यो जापो दिवपाक शिक्षकांनी तयार रावपाक जाय. भंय, चिंता ही एक मोठी समस्या आसा आनी ती पयस करपाखातीर नवीन नवीन तंत्र शिकत रावपाची गरज आसा. ते खातीर शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांचीय मदत घेवपाक जाता, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

कार्यशाळेचे मार्गदर्शक श्री. राजू माधवन, श्री. सुंदर अनंथ आनी उच्च शिक्षण अभियानाचे ज्येश्ठ सल्लागार श्री. रमेश गावकर हेवूय ह्यावेळार हजर आशिल्लें.

उच्च शिक्षण संचालक श्री. लोलयेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. म्हापशेंच्या डी.एम.एस. महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. दिलीप आरोंदेकर आनी मडगावच्या कार्मेल महिला महाविद्यालयाच्यो प्राचार्य डॉ. सी. आराधना हांणी ह्यावेळार आपले विचार मांडले.

श्रीमती सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले तर श्री. रमेश गांवकर हांणी निमणे उपकार मानले.